**कृशी संचालनालयान नॅनो युरिया आनी डीएपी  साऱ्याचो वापर करपाच्या मोहिमेक सुरवात केली**

ता. 20 जुलय  2023

पिकावळीक पुश्टीक घटक दिवप आनी पीक उत्पादन गुणवत्ता वाडोवप तशेंच पारंपरीक गुळी युरिया साऱ्याचो वापर कमी करपाच्या उद्देशान कृशी संचालनालयान इंडियन फार्मर्स फर्टिलायझर को-ऑपरेटिव्ह लिमिटेड (IFFCO) च्या सहकार्यान गोंय राज्यांत नॅनो युरिया आनी नॅनो डीएपी साऱ्याचो वापर करपाच्या  मोहिमेक काल एला फार्म, पोरणे गोंय हांगा सुरवात केली. ह्या वेळार ड्रोनाचो वापर करून पिकावळीक नॅनो युरिया सारे दिवपाची प्रात्यक्षिकांय जाली.

ह्या वेळार उलयताना कृशी संचालक श्री. नेव्हिल अल्फोन्सो हांणी सांगलें, नॅनो युरियाचो देशभरांत वापर सुरू जाल्लो आसून नॅनो युरिया वापराचे भरपूर  फायदे आशिल्ल्या कृशी मळार नवी क्रांती येतली. नॅनो युरियाच्या वापराविशीं शेतकारांमदी जागृताय करपा खातीर राज्यांतल्या प्रत्येक पंचायत वाठारांत प्रत्यक्षीकां आयोजीत करपात येतली.  ड्रोनाचो वापर करून खरीप आनी रबी मोसमातल्या पिकावळीक नॅनो युरिया सारे कशें दिवप आनी नॅनो युरिया साऱ्याचो कसो फायदो जाता हाची प्रात्यक्षिकांवरवीं शेतकारांक म्हायती दितले. नॅनो खतांचो वापर केल्ल्यान पिकावळीची नायट्रोजनाची गरज पूर्ण जाता आनी पीकाचे उत्पादन वाडपाक मजत जाता.  वांगडाच खर्चय कमी जाता आनी शेतकारांच्या येणावळीत वाड जाता.

पिकावळीक नॅनो युरिया सारे दिवपाक ड्रोनाचो वापर केल्ल्यान खर्च आनी वेळेची बचत जाता. कृशी वापरा खातीरचो ड्रोन खरेदी करपाक कृशी संचालनालय 50% अनुदान  दिता, तशेंच कृशी संचालनालय सेवा दिवप्यांमार्फत भाडेतत्वाचेर कृशी वापराचो ड्रोन उपलब्ध करता, अशेंय तांणी सांगलें.

इफकोचे क्षेत्रय अधिकारी श्री विजय बोणगे हांणी नॅनो युरिया तंत्रज्ञान, नॅनो युरियाचे पुश्टीक घटक, नॅनो युरियाचे पिकावळीक जावपी फायदे  आनी वापरा विशीं म्हायती दिली.

मे. गरूडा एरोस्पेसचे उपाध्यक्ष राजकुमार हांणी कृशी ड्रोनाच्या वापराविशीं म्हायती दिली. कृशी ड्रोनाच्या वापराविशीं शेतकारांमदी जागृताय करपा खातीर कंपनी वतीन ड्रोन यात्रा सुरू करपात येतली, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार गोंय कृशी म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. सुरेश कुंकळ्येकर, सहायक कृशी संचालक (पिक) श्री प्रमोद जोशी, पालवी संचालक शिवदास गांवकर, प्रसन्ना कुमार, श्री सत्यवान देसाय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/576

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.